भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी

# जेजू आनी जाक्युस



बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Janie Forest
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- Ruth Klassen

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2023 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.
देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.



एक दीस जेजू
जेरिकोंतल्यान
गेलो. हें शार
जोशूवान बऱ्याच
आदीं नश्ट केल्लें.
आतां ते परत
बांदले आनी थंय
जायते लोक
रावताले. तातूंत
जाक्युस नांवाचो
एक मनीस
आशिल्लो.



घडये जेरिकोंतल्या हेर लोकांक जाक्युस चड आवडलोना कारण ताणें तांचे कडल्यान कराचे पयशे एकठांय केल्ले. जाक्युसान कांय पयशे सरकाराक धाडले – पूण जायते पयशे स्वता खातीर दवरले.

कर वसुली करपी आशिल्ल्यान जाक्युस खूब गिरेस्त जालो. ताचें घर शेजरांतलें सगळयांत व्हडलें आनी सगळयांत बरें आसूं येता.



पूण तो खूब ल्हान
आशिल्लो – पयशांची
उणी न्हय, पूण उंचाय
उणी. जाक्युस हेर लोकां
इतलो उंच केन्नाच
वाडूंक नाशिल्लो.





जेजू जेरिकोंत आसा म्हण जाक्युसान आयकलें
तेन्नां, ल्हान करवसुली करप्याक नाझारेथांतल्या मनशाक
पळेवंक जाय आशिल्लें, जो आपूण देवाचो पूत
अशें सांगतालो. पूण गर्दी दाट ... लोक उंच.



जाक्युसाक एक कल्पना
आयली! ताका गर्दे मुखार
वचूंक मेळ्ळें जाल्यार...
रस्त्याचेर लटकून आशिल्ल्या
झाडाक चडपाक मेळ्ळें
जाल्यार... ताका जेजू
पळोवंक मेळटलो.



सायकामोर झाडाचेर चडून
जाक्युसाक फांट्यांनी बरी
सुवात मेळ्ळी आनी जेजूची
वाट पळोवपाक बसलो.
“म्हाका बरी नदर मेळटली”
अशें ताका दिसलें आसूं येता.
“ताणें म्हाका पळयनासतना
हांव ताका
पळयतलों.”

“जाक्युस, बेगीन सकयल ये.” ल्हान करवसुली करप्याक ताच्या कानांचेर विस्वास येवंक नाशिल्लो. जेजू झाडा सकयल उबो रावलो..जेजू ताचे कडेन पळयत आशिल्लो. जेजू ताका आपयतालो!





जेजून ताका आपयलो तें
आयकून जाक्युस अजाप
जालो, जाल्यार जेजून
“आयज हांव तुज्या घरांत
रावंक जाय” अशें म्हणलें
तेन्ना ताका अजाप जालें
आसूंक जाय. जाक्युस इतले
बेगीन सकयल आयलो की
तो पडपाक चुकलो.

जेजू आपल्या घरा भेट दितलो म्हूण जाक्युस
खोशी जालो. पूण लोकांक तें आवडलें ना.
जेजून जाक्युस सारक्या पापी मनशाक भेट
दिवंक फावना अशी
कागाळ तांणी केलो.





जेजून जाक्युसाक एक
नवी जीण हाडली.
जाक्युसान म्हणलें,
“प्रभु, हांव म्हजो अर्दो
माल गरीबांक दितां.
आनी कोणाक फटोवन
दिल्यार चार पटींनी
परत दितलों.”

जाक्युसाच्या नव्या
जिविताक लागून जेजू
खोशी जालो. लोक
पातकांतल्यान वळून
योग्य तें करतात तें
पळोवपाक ताका खूब
आवडटा. जेजून
म्हणलें, “मनशाचो पूत
गमावल्ल्याक सोदपाक
आनी वाचवपाक
आयला.” त्या दिसा
जेरिकोंत जेजूक
जाक्युस मेळ्ळो!



# जेजू आनी जाक्युस

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

लूक १९

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

# शेवट

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! ज़ुांव 3:16